आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

Date :07/01/2026 7.20 pm

मुखेल खबरो

- राज्याच्या नव्या लोकायुक्तांची घोशणा फाल्यां मेरेन जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.
- आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत भु सर्वेक्षण खात्यात 157 सर्वेयर आनी 1 अतीरीक्त संचालक पदाची भरती करपाचो निर्णय जाला
- ग्रीन रे फावंडेशनान गोंय जैवविविधताय मंडळ आनी कला आनी संस्कृती खात्याच्या सहकार्यान 'ग्रीन ग्लो' पर्यावरण महोत्सव घडोवन हाडला
- world peace university हे विद्यापीठ संप्टेबर म्हयन्यासांवन गोंयात थिवी हांगा सूरू जातले . विद्यापिठात 25 गुणेस्त विद्यार्थ्याकं शिश्यवृत्ती दीतले अशी म्हायती wpu चे कार्यकारी अध्यक्ष राहुल कराड हांणी दील्या.
- खेलो इंडिया बीच व्हॉलीबॉल सर्तींत गोंयचे पंगड जैतिवंत

जावडेकर 90

राज्याच्या नव्या लोकायुक्तांची घोशणा फाल्यां मेरेन जातली. बसकेंत दोन नांवांचेर चर्चा जाल्या. फाल्यां मेरेन लोकायुक्तांची घोशणा करतले, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

बसकेक विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हाजीर आशिल्ले. बसकेंत दोन नांवांचेर चर्चा जाली. बसकेंतल्या इतिवृत्ताक मान्यताय दिले उपरांत फाल्यां मेरेन नांव जाहीर करतले. इतिवृत्ताचेर सय जाय मेरेन नांव जाहीर करपाक मेळचें ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणलें.

लोकायुक्तपद जायते म्हयने रितें आशिल्ल्यान आडकून उरिल्ल्या कागाळिंचो आंकडो वाडतूच आसा. बसकेंत दोन नांवांचेर चर्चा जाली. लोकायुक्तांची घोशणा बेगीनूच करतले, अशी म्हायती विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी दिली.

१००

12-16 जानेराक जावपी शियाळी अधिवेशनात भु महसुल कायदो दुरूस्ती विधेयक,goa institute of management खासगी विद्यापीठ विधेयक,मोपा विमानतळ विकास प्राधीकिरण विधेयक,गोंय जनविश्विस दुरूस्ती विधेयक मांडटले अशी म्हायती आयज मुखेलमंत्री दोतोराप्रमोद सावंत हांणी दील्या.

मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.

आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत भु सर्वेक्षण खात्यात 157 सर्वेयर आनी 1 अतीरीक्त संचालक पदाची भरती करपाचो निर्णय जाला ही पदा गोय कर्मचारी भरती आयोगावरवी जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. हे शाविय बिरसा मुंडा जयंतीच्या फांटभुयेर आयोजित केल्ल्या कार्यावळीक 16 कोटी रूपयाची ex post facto approval आयज मंत्रीमंडळान दीला. मडगांवचे रविंद्र भवनाचे नुतनीकरणाखातीर साडे चार कोटी रूपया खर्च करपाक लेगीत ह्या बसकेत ex post facto approval दीला.

१३५

ग्रीन रे फावंडेशना वतीन पणजे १० जानेवारीक ग्रीन ग्लो महोत्सवाचें आयोजन केलां. पाटो संस्कृती भवनांत दिसभर चलपी ह्या महोत्सवांत चित्रपट प्रदर्शन, हरित कुशळटाय, व्हिडिओ ऍडिटिंग कार्यशाळा, पोस्टर प्रदर्शन आनी हेर कार्यावळी आसतल्यो. फावंडेशनाचे प्रवीण सबनीस हांणी ही म्हायती दिली. बुधवारा पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. ह्या वेळार तोमाझिन कार्दोझ हाजीर आशिल्ले.

महोत्सव गोवा जैव विविधता मंडळ आनी कला आनी संस्कृती खात्याच्या सहकार्यान आयोजीत केला. ह्या वेळार सुहास प्रेमकुमार दिग्दर्शीत लिट्ल प्लॅनेट हो पुरस्कार फावो जाल्लो चित्रपट तशेंच आरती कुलकर्णी हांचो ऑलिव्ह रिडले कासवांचेर लघुपट दाखयतले. नीरज प्रभु व्हिडिओ एडिटिंग कार्यशाळा घेतले. जाल्यार सांजेवेळार मंडळाचे अध्यक्ष डॉ. प्रदीप सरमोकादम हांचें भाशण जातलें, अशे ताणी सांगले.

ते भायर पर्यावरण क्षेत्रांतल्या योगदाना खातीर सर्गेस्त मारिया पिंटो हांच्या उगडासाक ‘ग्रीन कमिटमेंट ॲवॉर्ड’ ॲलेक्सिस फर्नांडीस हांका भेटयतले.

हो महोत्सव सगळ्यां खातीर उक्तो आसून प्रवेश शुल्क ना अशी म्हायती आयोजकांनी दिल्या.

<u>रश्मी ९५</u>

world peace university हे विद्यापीठ संप्टेबर म्हयन्यासांवन गोंयात थिवी सूरू जातली.सुरवेक 500 विद्यार्थ्यां‍ंक 10 वी अभ्यासक्रमावरवी शिक्षण दीतले. जाल्यार एका विद्यार्थ्याक 7.5 लाख फी आसतली.

ह्या अभ्यासक्रमात अभियिंत्रीकी,designs, liberaral art, journalism तशेंच हेर विशयाचो आसपाव आसा. ह्या अभ्यासक्रमादरम्यान europe and asia वरवी शेक्षणीक भोंवडी, तशेंच भारतातल्या 5 राज्यात शैक्षणिक दौरे जातले अशी म्हायती विद्यापिठाचे राहुल कराड हांणी दील्या. ह्यावेळार विद्यापिठाचे प्राचार्य हृदयेश देशपांडे,श्रुती निगुडकर,शिव त्रिपाठी तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

गोंयात एक बरे शिक्षणीक केंद्र जावपाची ताक आसा अशे ह्यावेळार wpu चे कार्यकारी अध्यक्ष राहुल कराड हांणी दील्या.विद्यापिठात 25 गुणेस्त विद्यार्थ्याकं शिश्यवृत्ती दीतले अशी म्हायती तांणी हेवेळार दील्या.

<u>Rashmi 65</u>

अनुसुचित जाती आनी ओबीसी कॉर्पोरेशनाच्या माध्यमांतल्यान रिणाचो लाव घेतिल्ल्या सुमार 500 अनुसुचीत जाती आनी ओबीसी लावार्थ्यांक गोंयच्या मंत्रीमंडळान एकठांय केल्ल्या रिणाच्या व्याजांतल्यान ₹3.20 कोटी रुपयांची माफी मान्य केल्या. लावार्थ्यांनी ल्हान रीण घेतिल्लें, सुमार 25 ते 30 वर्सां आदीं पूण मुळावें आनी व्याज परत करपाक अपेस तांका आयील्लेयलें, ताचे उपरांत तांचे आड केशी दाखल जाली.आतां लावार्थ्यांक फकत मुळावी रक्कम परत करची पडटली, जी ₹5,000 ते ₹10,000 मदीं आसा.

60/116

जागतिक मराठी अकादमीचे21 वे जागतिक मराठी शोध मराठी ह्या संकल्पनैचेर आधारीत संमेलन 9-11 जानेवारी ह्या काळात कला अकादमीत जातले अशी म्हायती सन्मेलनाचे सरचिटणीर प्रा.अनिल सामंत हांणी दील्या. ह्या सन्मेलनाचे उक्तावण महाराश्टाचू मुखूलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांच्या हस्तुकी जातले.ह्यावेळार गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत ,वीज मंत्री सीदीन ढवळीकार,पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे,महाराश्टाचे सांस्कृतीक मंत्री आशिश शेलार,उद्देग आनी मराठी भाशा मंत्री उदय सामंत हाजीर रावतले.

जाल्यार समारोप सुवाळ्याक  मुखूल सोयरे म्हण महाराश्टाचे आदले मंत्री सीशीलकुमार शिंदे,केंद्रीय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक,राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे,कला अकादमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार,तशेंच आदले केंद्रीय कायदो मंत्री अॅड.रमाकांत खलप हाजीर रावतले.

पद्मभुशण अनिल काकोडकार हांच्या अध्यक्षतायेखाला ह्या सन्मेलनाचे आयोजन केला. ह्या सन्मेलनात चित्रपट,नाटक,कला,साहीत्य , उद्देग,शिक्षण, खेळ ,पर्यटन,अर्थवेवस्था,आनी समाजीक मळावेले नामनेचे मानेस्त हाजीर रावतले.

जाण १००

गोवा राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाची विज्ञान प्रज्ञासोद परिक्षा: 2025-26 जाहीर जाल्या. ही सर्त इकरावी आनी बारावी विज्ञान फाटयांत शिकपी विद्यार्थ्यां खातीर आसा. ही परिक्षा विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी पर्यावरण विभागाच्या सहकार्यान आयोजीत जाता. ह्या विज्ञान प्रज्ञासोद परीक्षेत पात्र थारपी 25 विद्यार्थ्यांक सेगीत 2 वर्सां अडेच हजार रुपया शिश्यवृत्ती दितले अशे  गोवा राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान जाहीर केला. परिक्षेचे वेळापत्रक उपरांत जाहीर करतले. सगळ्या शाळा मुखेल्यांनी ह्या प्रज्ञासोद परीक्षेविशी विद्यार्थ्यांक म्हायती दिवंची अशे जी एस सी आर टी न कळीत केला. परीक्षेक बसूक विद्यार्थ्यांनी  भौतिकी, रसायनशास्त्र आनी जीवशास्त्र (पीसीबी) वा भौतिकी, रसायनशास्त्र आनी गणित (पीसीएम) अशे विषय निवडूंक येता

Dip 145

गोंय सरकारचे दिव्यांग सक्षमीकरण संचालनालय आनी राज्य दिव्यांग आयुक्त कार्यालयान संजय विशेश शिक्षण केंद्रात "जीवन सक्षमीकरण, हक्कांची खात्री" ह्या संकल्पनेचेर आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग व्यक्ती दीस मनयलो.

ह्या कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण मंत्री श्री सुभाष फळ देसाय उपस्थित आसिल्लें. तशेंच राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर; दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण खात्याचे सचीव श्री प्रसन्न आचार्य; दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण खात्याच्यो संचालक श्रीमती वर्षा नाईक; राज्य दिव्यांग व्यक्ती

आयुक्त विभागाचे सचीव श्री ताहा हाझिक आनी संजय विशेश शिक्षण केंद्राच्यो वांगडी सचीव श्रीमती नीतल आमोणकर आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक उपस्थित आशिल्लें. ह्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण मुख्यमंत्री करंडक जैतिवंत गोंयच्या व्हीलचेअर क्रिकेट पंगडाचो तांच्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर मंत्र्याहस्तुकीं सन्मान केलो.

आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग दिसा निमतान विशेश शाळांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर पोस्टर मेकींग, रेखाचित्र, प्रश्नमंजुषा, दृश्य कला अशां विवीध सर्ती आयोजीत केल्ल्यो. विद्यार्थ्यांमदल्या सर्जनशील कलेक प्रोत्साहन दिवप हो उपक्रमाचा उद्देश आशिल्लो. सर्तींच्या जैतिवंत विद्यार्थ्यांक मानेस्तांच्या हस्तुकीं इनामां भेटयली.

<u>हवामान 46</u>

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३3 .7औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान १९.2 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३2.९ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान १८.४ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

<u>खेळ ५०</u>

दीवांत चालू आशिल्ल्या खेळो इंडिया बीच गेम्साच्या बीच व्हॉलीबॉल सर्तींत दोनूय गोंय पंगडांनी आपल्या विरोधकांक हारयले. सकाळच्या सत्रांत रामा धावस्कर आनी नितीन सावंत हांचो आस्पाव आशिल्ल्या गोय एक पंगडान गुजरात - दोन पंगडांक 21-14, 21-14 न हारयलो जाल्यार दुसरे लडतीन गोंयान राजस्थान - एक पंगडाक 21-10, 21-10 असो पराभव केलो.

<u>आता परतून एक फावट मुखेल खबरो</u>

- राज्याच्या नव्या लोकायुक्तांची घोशणा फाल्यां मेरेन जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

- आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत भु सर्वेक्षण खात्यात 157 सर्वेयर आनी 1 अतीरीक्त संचालक पदाची भरती करपाचो निर्णय जालो

- ग्रीन रे फावंडेशनान गोंय जैवविविधताय मंडळ आनी कला आनी संस्कृती खात्याच्या सहकार्यान 'ग्रीन ग्लो' पर्यावरण महोत्सव घडोवन हाडला
- world peace university हे विद्यापीठ संप्टेबर म्हयन्यासांवन गोंयात थिवी सूरू जातले . विद्यापिठात 25 गुणेस्त विद्यार्थ्यांकं शिश्यवृत्ती दीतले अशी म्हायती wpu चे कार्यकारी अध्यक्ष राहुल कराड हांणी दील्या.
- खेलो इंडिया बीच व्हॉलीबॉल सर्तींत गोंयचे पंगड जैतिवंत